22 February 2025 सकाळी - 7.25

आकाशवाणी पणजी केंद्रांच्या

प्रादेशिक खबरा विभागवरवीं,

मन की बात - 70

आकाशवाणीचेर फाल्यां जावपी, 'मन की बात' कार्यावळींत, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी, देश विदेशांतल्या लोकांकडेन आपले विचार उक्तायतले. म्हयन्याळ्या रेडिओ कार्यावळीचो, हो 119वो भाग आसतलो. आकाशवाणी आनी दूरदर्शनाच्या पुराय नेटवर्काचेर, AIR न्यूज संकेतथळार, न्यूजऑनएअर मोबायल ॲपाचेर ही कार्यावळ प्रसारीत जातली. तशेंच AIR न्यूज, डीडी न्यूज, पीएमओ, आनी म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या युट्युब चॅनलांचेर, ताची लायव्ह वितरवणी जातली. आकाशवाणी हिंदी प्रसारणा उपरांत रोखडीच, प्रादेशिक भाशांनी ही कार्यावळ प्रसारीत करतले.

Information Website -

पारदर्शकता, जबाबदारी आनी सुशासनाक चालना दिवपाखातीर माहिती हक्क कायदो, हे एक शक्तिशाली साधन आसा, अशें केंद्रीय मुख्य माहिती आयुक्त हिरालाल समारिया हांणी सांगलें. समारिया आयज पाटो पणजी हांगा, गोंय राज्य माहिती आयोगाच्या सुदारित वेबसायटीचे उक्तावण केले उपरांत उलयताले. गोंय राज्याचे मुख्य माहिती आयुक्त अरविंद कुमार एच. नायर, राज्य माहिती आयुक्त आत्माराम आर. बर्वे, आयुक्त आनी सचीव (म्हायती आनी प्रसिध्दी) रमेश वर्मा, गोंय राज्य माहिती आयोगाच्यो सचीव सरिता गाडगीळ आनी म्हायती आनी प्रसिद्धी खात्याचे संचालक दीपक बांदेकर ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

समारिया हांणी फुडें सांगलें की लोकशाय वेवस्थेत,  मतदारांक सरकारच्या कामांची माहिती आसप गरजेची आसा आनी  सरकारी कामांनी पारदर्शकता राखपाक माहिती अधिकार कायदो, एक म्हत्वाचे साधन म्हूण काम करता. सरकारी कामांनी  पारदर्शकता आसल्यार, संबंदीत अधिकाऱ्याची जबाबदारी वाडटा आनी  योग्य  निर्णय घेवपाक कृती करची पडटा आनी ताचो परिणाम म्हळ्यार, सुशासन वाडीक लागता. राज्याचे मुख्य माहिती आयुक्त अरविंद कुमार एच. नायर हांणी ह्या वेळार उलयतना सांगलें की, आयोगा मुखार प्रलंबित आशिल्ली प्रकरणां निकालांत काडप, हे आमचे प्राधान्य.  2025 मेरेन सगळीं  प्रलंबित प्रकरणां निकालांत काडपाचे उद्दीश्ट आशिल्ल्याचे तांणी सांगलें.

6th 10th NEP -

अंदूच्या शिक्षणीक वर्सा सावन यत्ता सवी आनी धावे खातीर, राष्ट्रीय शिक्षण धोरण (एनईपी) लागू जातलें. हे विशींचें परिपत्रक शिक्षण खात्यान जारी केलां. यत्ता सवे खातीर ९,  जाल्यार धावे खातीर १० विशय आसतले. सवे खातीर एससीईआरटी वतीन समान पेपर काडटले. तपासणी मात, शाळां वतीन जातली. सवी आनी धावे खातीर, अंदूच्यान एनईपी लागू जातली, अशी घोशणा आदींच जाल्ली. तरी समितीचे बसकेंत, शिक्को मारले उपरांत, शिक्षण खात्यान आतां कार्यवाहीचें परिपत्रक जारी केलां. सवे खातीर नवीन पुस्तकां लागू जातलीं. धावे खातीर णववी प्रमाण तीन भाशा आनी हेर सात विशय आसतले. विशयाचें दरेक वर ४० मिनटांचें आसतलें आनी सप्तकाक ४८ वरां घेवचीं पडटलें.  वर्साचे गरजेचे शिक्षणीक वरां (१२०० वरां) पुराय जावपा खातीर अंदू एप्रील सावन सवी आनी धावेचे वर्ग सुरू करपाचो निर्णय जालो.

गाेंयच्या प्रयागराज -

प्रयागराज हांगा चालू आशिल्ल्या महाकुंभमेळ्याक गोंयासावन सुमार १२०० भाविकांक घेवन आयज राती तिसरी खास रेल्वे गाडी मडगावसावन भायर सरतली. मेळिल्ले म्हायतीनुसार राती पावणे आठ वरांचेर ही रेल्वे मडगाव रेल्वे स्थानकावयल्यान भायर सरतली. समाजकल्याण मंत्री सुभाष फळदेसाय हे भाविकांक निराेप दितले.

हे आदी अश्यो दोन खास रेल्वे गाडयो मडगावसावन प्रयागराज हांगा गेल्ल्यो सुमार तीन हजार भाविक तेवरवीं कुंभमेळ्यात वांटेकार जाल्ले.

सृजनसाज -

सृजनसाज कुंकळ्यें, म्हाडोळ ह्या संस्थेन कला आनी संस्कृती खात्याच्या जोडपालवान 'सृजनविस्तार साज गोंयच्या लोककलेचो ' ही कार्यावळ घडोवन हाडल्या. फाल्यां सां. ६ वरांचेर कुंकळ्येंच्या व्हॉलीबॉल मैदानाचेर ह्या सुवाळ्याचे उक्तावण जातलें. कला आनी संस्कृती मंत्री गोविंद गावडे ह्या कार्यावळीक मुखेल सोयरे म्हूण हाजीर रावतले.

बुलबुल समारोप -

मडगावच्या रवीन्द्र भवनात फाटले पाच दिस चालू आशिल्ल्या बुल बुल आंतरराष्ट्रीय बाल चित्रपट महोत्सवाचो काल समारोप सुवाळो आसलो. समाजकल्याण मंत्री सुभाष फळदेसाय हे ह्यावेळार मुखेल साेयरे म्हूण जाल्यार मडगावचे आमदार दिगंबर कामत हे खास सोयरे म्हूण ह्या सुवाळ्याक हाजीर आसात.

गाेंय सरकारच्या म्हायती आनी प्रसिद्धी खात्याच्या पालवान घडोवन हाडिल्लो हो महोत्सव फाटले पाच दिस चालू असून संवसारांतल्या वेगवेगळ्या देशांतले सुमार ८० चित्रपट आनी लघुपटांचे तातूंत प्रदर्शन जाले.

हो महोत्सव पळोवपाक गोंयच्या वेगवेगळ्या शाळांतल्यान विद्यार्थी आयिल्ले. तांचे खातीर वेगवेगळ्या सर्ती घडोवन हाडिल्ल्यो. काल ह्या महोत्सवात विद्यार्थ्याखातीर रोबाेटिक्स आणि आर्टिफिशियल एन्टीलिजंट ह्या विशयावेर कार्यशाळा जाल्ली.

लिएंडर पेस -

मडगाव: मूळ गोंयकार आशिल्लो भारताचो म्हान टेनिस खेळगडो लिएंडर पेस हाणें गोंयाविशीं उक्तायताना गोंयांतल्यान बरे टेनिस खेळगडे तयार जावचे अशी इत्सा उक्तायली. त्या खातीर गांेंयांत खेळां अकादमी सुरू करपाची आपली येवजण आसा. येत्या त्या १८ म्हयन्यात ह्या प्रकल्पाविशीं निर्णय जातलो अशेे तांणी सांगलें.

मडगावच्या बीपीएस क्लबात लिएंडर पेस हांचेकडेन उदेंत्या टेनिस खेळगड्या खातीर संवाद घडोवन हाडलो. गोंयांतल्यानय बरे खेळगडे मुखार येवंक जाय. जे संवसारीक पांवड्यावेले खेळगडे आसतले आनी देशांक ऑलिंपिक पदकां हाडपाची तांक तांचेमदीं आसतली. हेच खातीर आपली अकादमी ह्या खेळगड्यांक तयार करपाचे काम करतली. हे अकादमींत टेनिस खेळाचेर चड भर दितले अशें तांणी सांगलें.

भारताचो म्हान  टेनिस खेळगडो आशिल्ल्या लिएंडर पेस हाचो आंतरराष्ट्रीय टेनिस हॉल ऑफ फेम पदक दिवन भोवमान केल्लो. हें पदक हांव म्हजी मूळ भुंय गोंयाक आनी गोंयच्या लोकांक समर्पित करतां अशें तांणी सांगलें.

ह्या वेळार मडगावचे आमदार दिगंबर कामत हाजीर आशिल्ले. लिएंडर पेस हाका गोंयचो खूब मोग आसा. नव्या खेळगड्यांक ताच्या पावलांचेर पावल दवरून मुखार वचपाचो यत्न करचो अशें आवाहन तांणी केलें.

इतल्यान ह्यो प्रादेशिक खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजीच्या खबरा विभागाचे, मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें, आयज सांजे सात वरा जावन, वीस मिनिटांचेर.